Akashwani Panaji 10th November 2026 National news 8.40 am

Namaskar aakashvani panjichya pradeshik Khabra vibhaga varvi Akshata bodke tumka rashtriy khbaro dita. Mukhelkhabro

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल युक्रेनाचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन उलयतना चालू संघर्शा संबंदीत हालींच्या घडणुकां विशीं आपले विचार मांडले .

* केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हानी नागरिकांक डिसेंबर 2028 मेरेन गुजरात घुंवली वेखंदा मुक्त राज्य करपा खातीर एकठांय येवन वावर करचो अशें सांगलें.

* केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल आयज दिल्लींत यमुना न्हंयचे देगेर मनरिजवणे खातीर न्हंय क्रूझ सेवा सुरू करतले.

* भारत आनी युरोपीय संघटणेन काल द्विपक्षीय भागीदारीच्या पुराय वर्णपटाचेर प्रगतीचो नियाळ घेतलो.

Aata puray khabro

pm 53

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल युक्रेनाचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन उलयतना चालू संघर्शा संबंदीत हालींच्या घडणुकां विशीं आपले विचार मांडले . दूरध्वनी संवादांत प्रधानमंत्र्यानि संवाद आनी मुत्सद्देगिरी वरवीं संघर्श सोडोवपाक जाय अशी भारताची भुमिका सातत्यान परतून सांगली. संघर्श शांततायेन सोडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या सगळ्या यत्नांक योगदान दिवपाची भारताची तयारी पाणी स्पष्ट केली .

Shah 140

तरणाट्यांच्या फुडाराक धोको निर्माण करपी घुंवळी वखदांचो धोको पुरायपणान नष्ट करपा खातीर सरकारान शून्य सही शुण्यातायेचे धोरण आपणायलां अशें सांगून केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हानी नागरिकांक डिसेंबर 2028 मेरेन गुजरात घुंवली वेखंदा मुक्त राज्य करपा खातीर एकठांय येवन वावर करचो अशें सांगलें. अहमदाबादांतल्या मेळाव्याक मार्गदर्शन करतना शाहा हाणी 1 डिसेंबर 2026 सावन 1033 क्रमांकाचेर टोल फ्री हेल्पलायन आनी नियंत्रण कक्ष कार्यान्वीत जातलो अशें जाहीर केलें.नागरिकांक, पालकांक आनी शिक्षकांनी 1 डिसेंबर 2026 उपरांत 1033 ह्या क्रमांकाचेर फोन करून आपल्या भोंवतणच्या घुंवली वखदां विक्री वा सेवनाची खंयचीय घडणूक कळोवची असो उलो मारला.अहमदाबाद नगरपालिका आनी रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान गांधीनगर लोकसभा मतदारसंघांत हातांत घेतिल्ल्या

सुमार 30 भौशीक कल्याण प्रकल्पांचें उक्तावण करून बुन्याद घाले. केंद्रीय गृहमंत्र्यांनी वडाजांतल्या रामापीर नो टेकरा झोपडपट्टी वाठारांतल्या रहिवाशांचे खातीर प्रधानमंत्री आवास येवजणे खाला बांदिल्लीं कायमस्वरूपी घरां सयत 9 हजारां वयर घरां आनी 16 दुकानां खातीर संगणकीय ड्रॉ केलो.

sonowal 37

केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल आयज दिल्लींत यमुना न्हंयचे देगेर मनरिजवणे खातीर न्हंय क्रूझ सेवा सुरू करतले. हे निमतान उपराज्यपाल तारंजीत सिंग संधू आनी दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुसाय हाजीर आसतल्यो . न्हंयच्या सोनिया विहार-जगतपूर वाठारांत विकसीत केल्ल्या ह्या उपक्रमांत न्हंयचेर आदारिल्ल्या पर्यटनाक चालना दिवप आनी भोंवडेकारांक राष्ट्रीय राजधानींत नवो मनरिजवणेचो अणभव दिवपाचो हेत आसा.

delhi 33

दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुसा आयज पात्र कुटुंबांक फुकट एलपीजी सिलिंडर वांटतल्यो. अनुदानाची रक्कम लावाथ्र्यांच्या बँक खात्यांत थेट फायदो हस्तांतरणांतल्यान हस्तांतरीत जातली . अन्न आनी पुरवण मंत्री मंजिंदर सिंग सिरसाय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावतले.

railway 44

उत्तर रेल्वेन दिल्लीच्या मुखेल स्टेशनां वयल्यान प्रवाशांचा सोयी खातीर विस्तारान वेवस्था केल्या, खास करून देशाच्या उदेंत वाठारांनी छठाचो उत्सव मनोवपा खातीर वचपी प्रवाशांचे सोयी खातीर हि वेवस्था केल्या . नवी दिल्लींतलो आनंद विहार टर्मिनलाचेर अंदूं कायम होल्डिंग वाठार सुरू जाला अशें उत्तर रेल्वेन सांगलें.

eu 90

भारत आनी युरोपीय संघटणेन काल द्विपक्षीय भागीदारीच्या पुराय वर्णपटाचेर आनी संयुक्त व्यापक रणनिती अजेंडा चालीक लावपाच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो. सातवी भारत- युरोपीय संघटनेची रणनिती भागीदारी पुनरावलोकन बसका नवी दिल्लींत जाली. विदेश वेव्हार मंत्रालयांतली सचीव सिबी जॉर्ज आनी युरोपीय संघटनेचे भू-अर्थशास्त्र आनी आंतरसंस्थागत प्रस्नांचे उप-महासचिव मॅटी मासिकास हांणी सह-अध्यक्षपणान केलें. भारत-युरोपीय संघाच्या संबंदांतल्या सकारात्मक गतींक दोनूय वटांनी येवकार दिलो. भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार करार वेळार स्वाक्षरी करून ताची अंमलबजावणी करपा सयत वेपार आनी गुंतवणूक सहकार्याक

चालना दिवपाचे दिकेन दोनूय वटांनी केल्ल्या वावराचेर नियाळ घेतला अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां.

lebanan 105

भारत आनी लेबनान द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय विशयाचो नियाळ घेतला आनी राजकी-सुरक्षा, अर्थीक आनी समाजीक-संस्कृतीक खांब्यांतल्यान आनीक घटमूट करपाचे मार्गांचेर चर्चा केल्या. भारत-लेबनान विदेश वेव्हार कार्यालयाची पयली सल्लामसलत काल नवी दिल्लींत जाली.विदेश वेव्हार मंत्रालयांतले सचीव श्रीप्रिया रंगनाथन आनी लेबनानाच्या विदेश वेव्हार आनी स्थलांतरीत मंत्रालयाचे सरचिटणीस अब्देल सत्तार इस्सा हांणी सह-अध्यक्षपण केलें. दोनूय वटांनी वेपार आनी गुंतवणूक, डिजिटल भौशीक मुळावी बांदावळ आनी वखदां मळार सहकार्याक प्राधान्य दिवपाची वळख करून दिली. तशेंच परस्पर हितसंबंदीत प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर चर्चा जाली. आयज जाल्या चर्चेंत भारत-लेबनान द्विपक्षीय भागीदारी आनीक घटमूट करपाक योगदान दितली अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगलां

Gujarat 98

संवसारभर गुजराती समाज आयज नवें वर्स मनयतात, ताका लोकप्रियपणान 'बेस्तु वर्ष' अशें म्हण्टात. विक्रम संवत पंचांगांत कार्तिक म्हयन्याचो पयलो दीस अशीय ह्या दिसाची वळख आसा . ह्या निमतान मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह लोकांक नव्या वर्साची परबीं भेटाय्तले. दैवी आशीर्वाद घेवन ह्या परंपरेन नव्या वर्साची सुरवात जाता. लोक आपलो दीस देवळांनी वचून शांती आनी समृध्दीन सुरू करतात. तशेंच ह्या दिसाक , लोक लागींच्या व्यक्तींच्या निवासस्थानांक भेट दिवन 'नूतन वर्षभिनंदन' म्हल्यार-नव्या वर्साचीं परबीं-दितात . वेपारी मळार वेपारी आनी वेवसायीक फुडल्या वर्सा अर्थीक येस मेळोवपा खातीर लक्ष्मी देवीचो आशीर्वाद घेवपा खातीर आपल्या नव्या लेखा पुस्तकांची विधीपुर्वक पुजा करतात.

Cop 31 136

Antalya, तुर्किये हांगाच्या COP31 च्या पयल्या दीसाचो विषय हवामानाचेर कारवाय करप, अनुकूल अर्थीक वाड आनी दुबळ्या समाजांक घटमूट संरक्षण दिवपाचो उलो मारप असो आसलो . मुरात कुरुम आनी ख्रिस बोवेन हांच्या फुडारपणा खाला तुर्किये आनी ऑस्ट्रेलियेन शिखर सभेचें संयुक्त अध्यक्षपद औपचारीकपणान घेतलें. हवामान अर्थीक कामाच्या कार्यावळी सयत परिशदेचो नाकासो ठरयलो. अनुकूलन निधी आनी 1.5 अंश सेल्सियस तापमानाच्या लक्ष्या विशीं मतभेद सुटावे जावंक नात. उक्तावण दिसा नेपाळान दोंगर संबंदीत हवामानाच्या धोक्यांक

प्राधान्य दिवपाचो उलो मारलो, आफ्रिकन राश्ट्रांनी चड अर्थीक आदार दिवपाक यत्न केलो आनी पॅसिफीकाच्या प्रतिनिधींनी संवसारान 1.5 अंश सेल्सियस तापमानाच्या हवामान संकश्टाची तात्काळताय आनी आंतरराष्ट्रीय वाटाघाटीची गती हांचे मदीं वाडत वचपी फूट COP31 च्या उक्तावण दिसा दिसून आयली अशे कळयलें . हवामान अर्थीक कामाच्या कार्यावळीचो आस्पाव जाल्ल्यान प्रगती दिसून आयली जाल्यार अनुकूलन अर्थीक मळार सुटावे जावंक नाशिल्ल्या मतभेदांनी शिखर सभेत मुखार आशिल्ल्या आव्हानांचेर भर दिलो.

america 100

शांतताय कबलातीचे यत्न मुखार व्हरपा खातीर अमेरिकेचीं संयुक्त संस्थानां आयज अबू धाबींत रशिया आनी युक्रेन हांचे कडेन उलोवणी सुरू करतले, तातूंत झुजविरामाचेर नियंत्रण दवरप, प्रादेशिक वाद आनी झुजा उपरांतचे सुरक्षा हमीचेर भर दितले. तशेंच जर्मनी, फ्रांस, ब्रिटन आनी इटली ह्या सारक्या युरोपीय भागीदारांक नाटो आनी युरोपीय संघटने वांगडा व्यापक शांतताय प्रक्रियेंत आस्पवपाची येवजण वॉशिंग्टनान आंखल्या. तशेंच कराराची अंमलबजावणी करपाक मंजुरीची संभाव्य भुमिका आनी नव्यान संघर्श आडावपाचे मार्ग सोदून काडटले. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी रशियन आनी युक्रेन फुडार्‍यां मदीं निमाणी कबलात वा बसका जावपाची मुजत थारावंक ना.

cricket 34

एसीसी दादल्यांच्या 19 वर्सा पिराये सकयल्ल्या आशिया करंड क्रिकेट सर्तीत आयज ओमानांतल्या अल अमेरात क्रिकेट मैदानाचेर भारत आनी संयुक्त अरब अमीरात हांच्या मदी खेळ जातलो. ही मॅच भारतीय वेळा प्रमाण सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जावपाची आसा.

imd 36

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . हवामान खात्यान फुडले दोन दीस बिहार, नागालँड, मणिपूर, त्रिपुरा आनी मिझोरामात वीज पडपा वांगडा गडगडपाचो अदमास उक्तायला .

Partun ekfavt aycho mukhel khabro

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल युक्रेनाचे राष्ट्राध्यक्ष व्होलोडिमिर झेलेन्स्की हांचे कडेन उलयतना चालू संघर्शा संबंदीत हालींच्या घडणुकां विशीं आपले विचार मांडले.

* केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हानी नागरिकांक डिसेंबर 2028 मेरेन गुजरात घुंवली वेखंदा मुक्त राज्य करपा खातीर एकठांय येवन वावर करचो अशें सांगलें.

* केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल आयज दिल्लींत यमुना न्हंयचे देगेर मनरिजवणे खातीर न्हंय क्रूझ सेवा सुरू करतले.

* भारत आनी युरोपीय संघटणेन काल द्विपक्षीय भागीदारीच्या पुराय वर्णपटाचेर प्रगतीचो नियाळ घेतलो.

Ani itlyna hyo rashtriy khabro soplyomukhavele rashtriy Khabra patr tumka aayj sanje 6 vra 30 minitani aykunk meltale namaskar .